# प्रादेशिक खबरो

Date :26/11/2025 7.20 pm

मुखेल खबरो

भारतीय संविधानाचो स्विकार केल्ल्याच्या उगडासाक आयज देशभर संविधान दीस मनयतात. संविधानान दिल्ले हक्क आनी जवाबदारी सगल्यामेरेन तशेचं तरणाट्या पिळगेकडेन पावचे अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला.

ज्येश्ठ साहित्यीक महाबळेश्वर सैल हांकां कुवेंपु राष्ट्रीय पुरस्कार जाहीर जाला.

वाग वाठाराविशी सर्वोच्च न्यायालयाचो निर्णय सगळ्यांक बंधनकारक आसतलो. विशय न्यायालयात आशिल्ल्यान मंत्री लेगीत किदेच उलोव शका ना, अशें राना खात्याचे मंत्री विश्वजीत राणे हांणी सांगलें.

केंद्रीय आना राज्य युवा वेव्हार मंत्रालयावतीन 22 व्या राज्य युवा महोत्सवाचे 1आनी2 डीसेंबर मजगती पणजे कला अकादमीत आयोजन केला

National institute of design निर्मित झिरो बल्ब हो कोंकणी सिनेमा आयज इफ्फीच्या गोवा विभागावरवी दाखयलो

आता पुराय खबरो

६५nsd

भारतीय संविधानाचो स्विकार केल्ल्याच्या उगडासाक आयज देशभर संविधान दीस मनयतात. अंदूंचो विशय "आमचें संविधान - आमचो आत्मसम्मान" हो आसा .

रश्मी ११०

मजगती संविधानान दिल्ले हक्क सगल्यामेरेन तशेचं तरणाट्या पिळगेकडेन पावचे, संविधानान दिल्ली जवाबदारी किते, सरकारान किते करचे आनी लोकांनी किते करचे हांची म्हायतीविंशी जागृताय करपाच्य हेतान भारतीय जनता पार्टीन आयज संविधान दिसाची कार्यावळ आयोजित केला अशे

मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला. भारतीय संविधान दिसाच्या निमतान आयोजित केल्लया कार्यावळीत ते उलयताले.

पणजे इन्सटीट्युटी मिनेझिस ब्रागांझा सभाघरात आयोजित केल्लया ह्या कार्यावळीक मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत, भाजप प्रदेश अध्यक्ष दामोदर नायक, राज्यसभेचे खासदार सदानंद शेट तानावडे, भाजपाचे फुडारी के. अन्नमलाई,तशेचं भाजपाचे मंत्री आमदार, कार्यकर्ते आनी हेर मानेस्त हाजीर आशिल्ले.

ह्यावेळार भाजपाचे राश्ट्रीय सरचिटणिस तरुण चुंग हांणी भाजपाचे सरकार सदाच संविधानाप्रमाणा काम करता, प्रशासन हाताळता आनी जनतेक बरे सुशासन दिता अशे म्हणला.

जाण ५०

इतले मजगती शिक्षण संचालनालयान दिल्ल्या निर्देशांप्रमाण आयज सकाळी इकरां वरांचेर राज्यांतल्या शाळांनी प्रियेम्बलाचे सामुहीक वाचन केलें.सकाळीं जावपी प्रार्थना सभे वेळार संविधानाची प्रस्तावना वाचप आनी ताचो अर्थ सांगप अशोय कार्यावळी जाल्यो. भारतीय संविधान सगळ्या विद्यार्थ्यांनी वाचचे म्हूण उलोवपां/परिसंवाद/प्रश्नोत्तर/निबंद सर्ती/चित्रकला सर्ती अशें उपक्रम वर्सभर घडोवन हाडचे अशें शिक्षण संचालक शैलेश झिंगडे हांणी मांगलां....

जावडेकर ९०

ज्येश्ठ साहित्यीक महाबळेश्वर सैल हांकां कुवेंपु राष्ट्रीय पुरस्कार जाहीर जाला. ५ लाख रुपया आनी रुप्या पदक अशें ह्या पुरस्काराचें स्वरुप आसा. पुरस्कार भेटोवपाचो सुवाळो कुवेंपु हांच्या जल्मदिसाक २९ डिसेंबराक कुप्पली शारांत जातलो.

सैल हे गोंयचे नामनेचे कोंकणी लेखक आसा. तांणी आपल्या कादंबरींनी कोंकणी साहित्य गिरेस्त केलां. तांणी भारतीय साहित्यांत व्हड योगदान दिलां. तांची एकमतान ह्या पुरस्कारा खातीर निवड जाली. सैल हे लश्करांत आशिल्ले. १९६५ वर्सा तांणी भारत- पाकिस्तान झुजांत वांटो घेतिल्लो. तांकां केंद्रीय साहित्य अकादेमीचो पुरस्कार मेळ्ळा. तशेंच 'हांवठण'हे कादंबरी खातीर 2016 वर्सा तांका प्रतिश्ठेचो सरस्वती सन्मान फावो जाला.

१२५

वाग वाठाराविशी सर्वोच्च न्यायालयाचो निर्णय सगळ्यांक बंधनकारक आसतलो. विशय न्यायालयात आशिल्ल्यान मंत्री लेगीत किदेच उलोव शका ना, अशें राना खात्याचे मंत्री विश्वजीत राणे हांणी सांगलें. सर्वोच्च न्यायालयाच्या तज्ज्ञ समितीन वाग वाठाराविशी सर्वोच्च न्यायालयात अहवाल सादर केला. नेत्रावळी, खोतीगाव सयत भगवान महावीर अभयारण्य आनी भगवान महावीर पार्काचो आस्पाव अहवालात आसा. पयल्या पावंड्यार म्हादय अभयारण्याचो आस्पाव तज्ज्ञ समितीन करूक ना.

तज्ज्ञ समितीन जो अहवाल दिला ताचो आमी आदर करपाक जाय. सरकार हाचेर विचार करतलें, अशी प्रतिक्रीया राना खात्याचे मंत्री विश्वजीत राणे हांणी उक्तायली.पर्येची आमदार देविया राणे हांणी लेगीत प्रतिक्रीया उक्तावपाक न्हयकार दिलो. मुखेलमंत्री आनी राना खात्याचे मंत्री ॲडव्होकेट जनरलांकडेन उलोवन भुमिका स्पश्ट करतले, अशें देविया राणे हांणी सांगलें.तज्ज्ञ समितीन सर्वोच्च न्यायालयान अहवाल सादर केल्या उपरांत मंत्री आनी सांगेचे आमदार सुभाष फळदेसाय हांणी नेत्रावळीच्या आस्पावाक खर विरोध केला

रश्मी ६५

National institute of design निर्मित झिरो बल्ब हो कोंकणी सिनेमा आयज इफ्फीच्या गोवा विभागावरवी दाखयलो. 16 मिनिटाच्य  कोंकणी भाशेतलो  हो  सिनेमा बायलमनशांची जीण, वारसो हक्क, तशेचं जीणेच्या वेगवेगळ्या अणभवाचेर भाश्य करता अशी  म्हायची सिनेमाचे दिग्दर्शक सोहम भैंडे हांणी दिल्या. ह्या सिनेमाचे स्क्रिनप्ले सोहम भैंडे जाल्यार dop ओपी सोहन भैंडे आनी ध्रुव भैंडे हांणी केला जाल्यार सिनेमात अंजु कामत, तारका भैंडे, जुई मडगावंकार हांणी अभिनय केला.

Rashmi 110

श्रीसंस्थान गोकर्ण पर्तगाळ जीवनोत्तम मठाक 550 वर्सां पुराय जाल्या . हे निमतान 27 नोव्हेंबर - 7 डीसेंबर ह्या काळात विंगड विंगड धर्मिक,समाजीक आनी सांस्कृतीक कार्यावळीचे आयोजन केला.ह्या कार्यावळीत  28 नोव्हंबराक अशिया खंडातलो सगळ्यात व्हड 77 फुटाचो भगवान श्रीरामाच्या पुतळ्याचे अनावरण जातले अशी म्हायती मठाच्या केंद्रीय समीतीची अध्यक्ष आनी नामनेचे उद्देजक श्रिनिविस धेंपो हांणी दील्या.हे खेरीज  प्रधिनमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या हस्तुकी पर्तगाळ मठाचो पोस्टर स्टेम्पाचे अनावरण,तशेंच केंद्रीय वित्त खात्यावतीन पर्तगाळ मठाचे चित्र आशिल्ल्या खासा नाण्याचे अनावरण जातले अशी म्हायती श्रीनिवास धेंपो हांणी दील्या.ह्यि सात दीसाच्या कार्यावळीक 10-12 लाख भावीक हाजीर रावतले अशी म्हायती तांणी दील्या.

ह्या कार्यावळीक राज्यपाल पुसापती अशोक गजपथी राजु, मुखेलमंत्री दोतोर,प्रमोद सावंत, खासदार श्रीपाद नायचक,तशेंच हेर मानेस्त हाजीर रावतले.

रश्मी १०५

केंद्रीय आनी राज्य युवा वेव्हार मंत्रालयावतीन 22 व्या राज्य युवा महोत्सवाचे 1आनी2 डीसेंबर मजगती पणजे कला अकादमीत आयोजन केला अशी म्हायती खेळामंत्री रमेश तवडकार हांणी दील्या.

 राश्ट्रीय एकात्मता, सामुदायिक समरसताय, भावपण आनी साहसाची भावना वाडोवपाच्या हेतान ह्या महोत्सवाचे अयोजन करतात.अंदू राज्य युवा महोत्सव 3 घटकांनी जातलो: सांस्कृतीक ट्रॅक, इनोव्हेशन ट्रॅक (सायन्स मेला) & विकसीत भारत चॅलेंज ट्रॅक.हांतुन सांस्कृतीक ट्रॅकांत लोकगीत गट, लोकनाच पंगड, घोशणापत्र, कथा लेखन, कवीता लेखन, चित्रकला, रंगोली आनी फोटोग्राफी आसतली जातूंतल्यान विजेतो राष्ट्रीय पांवड्यावेल्या युवा महोत्सवांत वांटो घेतलो. जाल्यार राज्य युवा महोत्सवात जैतीवंत जाल्ल्या जैतीवंताक10 ते 12 जानेवारी 2026 मेरेन जावपी राश्टीय युवा महोत्सवात वाटो घेवपाक मेळटलो.

हवामान40

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत चडात चड तापमान ३३ औंश सेल्सिअस नोंद जाला तर उण्यात उणे  तापमान २२  औंश सेल्सिअस नोंद जाला.फुडले काय दिस  राज्य त हवामान सुकें उरपा संयत सकाळींच्या वेळार धुकें पाताळपाची शक्यताय खात्यान उक्तायला .

खेळ ३५

अर्पोरा गोयात फिडे विश्वचषक बुद्धिबळ सरतीत

उझबेक ग्रांडमास्तर जावोखीर सिंदारोवान चीनच्य जी

एम वी हाका हारावन २०२५ वर्षाचे विजेते पद मेलय्ले

हि आस एक कलोवणी १०५

प्रसार भारतीन  दूरदर्शन आनी आकाशवाणी पणजीच्या खबराविभागाखातीर कॉपी एडिटर (पीबीएनएस - शब्द) पदा खातीर अर्ज मागयता. कॉपी एडिटराची वट्ट 3 पदां आसात (2 दूरदर्शन आनी 1 आकाशवाणीत . ही नेमणूक एक वर्सा खातीर आसतली, कामगिरीचेर आदारून वाडोवंक मेळटली. दर म्हयन्याक एकठांय ३५,००० रुपया मानधन आसा . ३५ वर्सा पिरायमेरेनचे उमेदवार ह्या पदाखातीर अर्ज करू शकतात . उमेदवार पदवीधर आस्पावागडच 5 वर्सांचो माध्यमांतलो अणभव गरजेचो वा पत्रकारिता पदवी वा पदविका आनी 3 वर्सांचो अणभव आसप गरजेचो . तशेच उमेदवारांक कोंकणी, हिंदी/इंग्लीश, डिजिटल साधनां आनी सद्च्या घडनुकांचे गिन्यान आसप गरजेचें . इत्सूक उमेदवारांनीavedan.prasarbharati.org ह्या संकेततळ वरवीं ऑनलायन अर्ज करचो . अर्ज करपाची निमणी तारीक ३ दिसेम्बेर 2025 आसा.

आता परतून एक फावट मुखेल खबरो

भारतीय संविधानाचो स्विकार केल्ल्याच्या उगडासाक आयज देशभर संविधान दीस मनयतात. संविधानान दिल्ले हक्क  आनी जवाबदारी सगल्यामेरेन तशेचं तरणाट्या पिळगेकडेन पावचे अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला.

ज्येश्ठ साहित्यीक महाबळेश्वर सैल हांकां कुवेंपु राष्ट्रीय पुरस्कार जाहीर जाला.

वाग वाठाराविशी सर्वोच्च न्यायालयाचो निर्णय सगळ्यांक बंधनकारक आसतलो. विशय न्यायालयात आशिल्ल्यान मंत्री लेगीत किदेच उलोव शका ना, अशें राना खात्याचे मंत्री विश्वजीत राणे हांणी सांगलें.

केंद्रीय आना राज्य युवा वेव्हार मंत्रालयावतीन 22 व्या राज्य युवा महोत्सवाचे 1आनी2 डीसेंबर मजगती पणजे कला अकादमीत आयोजन केला

इतल्यान हयो प्रादेशिक खबरो सोपल्या आमचे मुखावेले प्रादेशिक खबरापत्र तुमका आयकुक मेळटले फाल्या सकाळी सात जावण 25 मिंनटाचेर नमस्कार